<u>प्रादेशिक खबरो</u>

Date :13/03/2026 7.20 pm

खबरो

- ऑनलायन पद्दतीन बूकींग केल्या उपरांत २५ दिसांनी घरगुती एलपीजी गॅस सीलींडर गोंयकारांक मेळटलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां.
- गोंयच्या यता 6 ते 12 वे मेरेनच्या चलयाक स्वरक्षणाच्या हेतन राणी लक्ष्मी बाई स्वरक्षण प्रशिक्षणा वरवी स्वरक्षणाचे धडे दीतात. हेखातीर मार्शल आर्टस प्रशिक्षितांकडल्यान सध्या शाळांनी आशील्ल्या physical education शिक्षकांक प्रशिक्षण दीतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.
- पणजे महानगरपालिकेचे वेंचणुकेंत , भाजपाच्या आदारान मंत्री बाबुश मोन्सेरात हांच्या पॅनलान ३० मदल्या २७ सुवातांचेर निर्णायक जैत जोडलें.
- गोंयांत 100 दिसां भितर AI धोरण सुरू करतले अशी म्हायती म्हायती तंत्रगिन्यिन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या.

145

ऑनलायन पद्दतीन बूकींग केल्या उपरांत २५ दिसांनी घरगुती एलपीजी गॅस सीलींडर गोंयकारांक मेळटलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां. वेवसायिक सीलींडराचे वाटप २० टक्के जाल्यार उद्देगीक वापराच्या सीलींडराचेर बंदी आसतली, अशें तांणी सांगलें.
Bytes20 sec

लोकांनी सहकार्य केले जाल्यार सगळ्याक एलपीजी सीलींडर उपलब्ध जातलें. जेंचे कडेन दोन, तीन कनेक्शना आसा, तांणी सीलींडरांचो साठो करून दवरचो न्ही अशें आवाहन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केलां. इस्रायल - अमेरिका झुझाक लागून हेर राज्यां प्रमाण गोंयांत सध्या एलपीजी गॅस सीलींडराचो उणाव आसा. हे फांटभुयेर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी शुक्रारा उचेल्या पावंड्यावेली बसका घेतली. हे बसकेक मुखेल सचिवां सयत अधिकारी तशेच ऑयल कंपन्यांचे प्रतिनिधी हाजीर आशिल्ले. पयलीच्या कोट्याचो जो रेकॉर्ड आसा, ताचे २० टक्के वेवसायीक सीलींडरांचे वाटप जातलें. केंद्रा कडल्यान वेवसायीक एलपीजी वाटपाविशी नव्यान निर्देश आयले उपरांत ते प्रमाण कार्यवाय जातली. दरेकी म्हालात दर दिसा नागरी पुरवण खात्याचे समन्वय अधिकारी एलपीजी सीलींडर साठ्याचो

नियाळ घेतले. हाका लागून साठ्याच्या उपलब्धतेची म्हायती सरकाराक मेळटली.

100

गोंयच्या यता 6 ते 12 वे मेरेनच्या चलयाक स्वरक्षणाच्या हेतन राणी लक्ष्मी बाई स्वरक्षण प्रशिक्षणा वरवी स्वरक्षणाचे धडे दीतात अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

आमदार देविया राणे हांणी खाजगी थारावावेळार चलयांक स्वरक्षणाच्या खातीर अशे प्रशिक्षण मेळप गरजेचे अशे म्हणला .तशंच हे प्रशिक्षण शैक्षणिक वर्साच्या तीन म्हयन्याबदला सप्तकातले तीन दीस दीवचे अशी मागणी ताणी केली. ह्यावेळार आमदार दोतोर चंद्रकांत शेट्य, प्रेमेंद्र शेट आनी आलेक्स रूजीनाल्ड लोरेन्स हांणी प्रशिक्षित शक्षकांनी स्वरक्षणाचे धडे दीवचे अशे म्हणला. हाका जाप दितना मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी हेखातीर मार्शल आर्टस प्रशिक्षिका कडल्यान सध्या शाळांनी आशील्ल्या physical education शिक्षकांक प्रशिक्षण दीतले. हे शिक्षक उपरांत चलया विद्यार्थ्यांक शिक्षण दीतले अशे म्हणला.

५५

११ मार्चीक जाल्ल्या पणजी महानगरपालिका वेंचणुकेची मतमेजणी आयज सकाळच्या ८ वरां सावन श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमाचेर जाली. पणजीचे आमदार आनी गोयचे कामगार, महसूल आनी कोयर वेवस्थापन मंत्री अतानासिओ मोन्सरार्त हांच्या फुडारपणा खाला, भाजपाच्या आदारान तांच्या पॅनेलान घणजी महानगरपालिका वैचणुकेत 30 वॉर्डातले 27 वॉर्ड जिखून निर्णायक जैत मेळयलें. जाल्यार उत्पल पर्रीकर समर्थक आमी पणजेकार पॅनलाचे 3 उमेदवार जैतिवंत जाले.पणजी महानगरपालिकेच्या 30 प्रभागांखातीर वेचणुक जाल्ली

90

गोंयांत 100 दिसां भितर AI धोरण सुरू करतले अशी म्हायती म्हायती तंत्रगिन्यिन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या.

“AI with a Human Touch” ह्या तत्वान मार्गदर्शन करून फुडल्या 100 दिसां भितर एक व्यापक artificial intelligence धोरण सुरू करपाचे दिकेन गोंय सरकार वावुरता. शासन आनी भौशीक सेवांनी एआय जापसालदार, नैतीक आनी समावेशक पणान आपणावपाची

खात्री करपा खातीर सरकारी खातें, उद्देग, शिक्षणीक आनी संशोधन संस्थां कडेन सल्लो घेवोन धोरण तयार करतले अशी म्हायती ताणी आलेक्स रेजीनाल्ड लोरेन्स हांणी गोंयच्या AI धोरण, चालीक लावपाच्या दीखेन कार्यपद्धतीवीशी विचारील्ल्या प्रस्नाक जाप दीतना दील्या.

जाण 90

राज्यातल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांनी राष्ट्रीय गणित ओलंपियाड २०२६ सर्तीची तयारी नेटान सुरू करची अशें गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक मंडळान मांगलां. देशभरांतले गणीतातले हुशार विद्यार्थी सोदून काडप आनी तांका योग्य ते मार्गदर्शन दिवप हो ह्या सर्तीचो मुखेल हेत आसा. ओलंपियाड सर्त एनसीईआरटी पुस्तकाचेर आधारीत आसा. २री ते १२वी मेरेनच्या विद्यार्थ्यांखातीर वेगवेगळ्या पांवड्यार जुलै- ऑगस्ट म्हयन्यातल्यात ह्यो राष्ट्रीय सर्ती सुरु जातल्यो. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० च्या उद्दिष्टांक पुरक अश्या ह्या गणित ओलंपियाड सरतीत चडानचड विद्यार्थ्यांनी वांटेकार जावंचे म्हूण शाळा मुखेल्यांनी येत्न करचे गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक मंडळान मांगलां

१४५

गोंय विधानसभा अधिवेशनाचे कामकाज आयज तीनदा स्थगीत जाले. विरोधी आमदारांनी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाओ हांच्या फुडारपणा खाला गोंय शेतकी जमनी संरक्षण विधेयक हाडपाक मेळ नाशिल्ल्यान निशेध केलो ना. आनी सभापतीच्या आसनामुखार वचून घोशणा दील्यो. हे फांटभुयेर सुरवेक 10 ,उपरांत 30 मिनटा आनी ताचे उपरांत 1 वराखातीर सभाघराचे किमकाज बंद उरले. हाका लागुन प्रस्नोतराचो बरोचसो काळ कामकाजा विणे गेलो.जाल्यार शुन्य वराचे कामकाज लेगीत जांवक ना.

विरोधक आमदारांनी आपणे मांडील्ल्या 16 विधेयकांक विधानसभेंत परवानगी दींवक ना असो दावो केल्ल्यान निशेध सुरू जालो.

तातूंतले विरेश बोर्करान हाणी स बिलां, विजय सरदेसाय हांणी पांच, व्हेंझी व्हिएगासान तीन, जाल्यार क्रूझ सिल्वा आनी कार्लोस फेरेरा हांणी दरेकीं एक बिल हाडलां अशें सांगलें. फाटल्या 4 वर्सात अशा 21 खाजगी विधेयकां मांडपाक दीवक ना असो आरोप विरोधकांनी केला. शुक्रारा दीसा खाजगी थाराव मांडपाचे दीस .मात ह्यानफुडे जर आमची खाजगी

विधेयका विधानसभेत मांडुंक दींवक ना जाल्यार आमी परत आंदोलन करतले शिटकावणी विरोधी पक्षातल्या फुडाऱ्यांनी दिल्ल्या.

हवामान 45

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३३.४ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २४.४औंश सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३३.८औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २४.6 औंश सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले.

खेळ ४५

आर्लेम क्रिकेट मैदानाचेर चालू आशिल्ले सरसांगण प्रायोरिटी सुपर सिरीज क्रिकेट 2026 सर्तीच्या चवथ्या दिसा सारस्वत टायगर्स आनी सीडी फावण्टनहेड्स ह्या पंगडांनी जैत जोडलें. पयले मॅचींत सारस्वत टायगर्सान डेझर्ट्स एन मोर एव्हेंजर्साक 5 विकेटींनी हारायलो.जाल्यार दुसरे मॅचींत सीडी फावण्टनहेड्सान सिंक रेंजर्स आड 9 विकेटींनी जैत जोडलें.

परतून एक फावट काय मुखेल खबरो

ऑनलायन पद्दतीन बूकींग केल्या उपरांत २५ दिसांनी घरगुती एलपीजी गॅस सीलींडर गोंयकारांक मेळटलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां.

गोंयच्या यता 6 ते 12 वे मेरेनच्या चलयाक स्वरक्षणाच्या हेतन राणी लक्ष्मी बाई स्वरक्षण प्रशिक्षणा वरवी स्वरक्षणाचे धडे दीतात. हेखातीर मार्शल आर्टस प्रशिक्षितांकडल्यान सध्या शाळांनी आशील्ल्या physical education शिक्षकांक प्रशिक्षण दीतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

पणजे महानगरपालिकेचे वेंचणुकेंत , भाजपाच्या आदारान मंत्री बाबुश मोन्सेरात हांच्या पॅनलान ३० मदल्या २७ सुवातांचेर निर्णायक जैत जोडलें.

गोंयांत 100 दिसां भितर AI धोरण सुरू करतले अशी म्हायती म्हायती तंत्रगिन्यिन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या.

आमचे फुडले खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या.